# राज्यपालाकडल्यान शिक्षक दिसाची परबीं

ता. 4 सप्टेंबर 2025

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी शिक्षक दिसानिमतान आमच्या समाजाचो फुडार घडोवपाक आपली जीण समर्पित करपी सगळें शिक्षक आनी शिक्षणतज्ञांक मनाकाळजासावन उर्बेभरीत परबीं भेटयल्या. म्हान तत्वज्ञानी आनी राजकारणी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांची ह्या दिसा जयंती. शिक्षणाच्या माध्यमातल्यान प्रामाणिक आनी गिन्यानी समाज निर्माण करपाचे तांचे व्हिजन खुब म्हत्वाचे आसा.

राज्यपाल म्हणटा, शिक्षक हे खरें राष्ट्रनिर्मातें आसात. ते न्हय फकत गिन्यान दितात, जाल्यार आपल्या विद्यार्थ्यांमदी मुल्यांची रूजवण करतात, जिज्ञासा वाडयतात आनी सभाव-गुणांक पोसवण दितात. प्रयोगशील जावपाक, नैतिक मुल्यां उखलून धरपाक आनी जबाबदार नागरिक जावपाक ते युवा मनांक मार्गदर्शन करतात, म्हूण आयच्या नेटान बदलपी संवसारात तांची भुमिका आनीक चड म्हत्वाची आसा. जे तरेन भारत “विकसीत भारत @2047” च्या उद्दीश्टा कडेन वाटचाल करता, तशें कुशळ, मायेस्त आनी फुडाराक तयार आशिल्ली पिळगी निर्माण करपात शिक्षकांचे योगदान म्हत्वाचे आसतले. विकसीत राष्ट्राची बुन्याद ताच्या शिक्षण पद्दतीची तांक आनी शिक्षकांच्या समर्पित सेवेचेर निंबून आसता.

कुशळटायेक पोसवण दिवपाक आनी युवा मनांची जडणघडण करपाक शिक्षकांकडल्यान जावपी अथक प्रयत्नांची तोखणाय करतना राज्यपाल म्हणटा, येणाऱ्या पिळग्यांक गिन्यानी आनी सशक्त करपाचो तुमचो वावर सतत चालू आसू. शिक्षक दिसाची उर्बेभरीत परबीं.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/721

--

----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.